गुलमोहर

फिलोमीना साँफ्राँसिस्को

गुलमोहर

(कविता संग्रह)

फिलोमीना साँफ्राँसिस्को

पर्गट्णारः

कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी
महानगरपालिका बांदप, लालभाग, मंगळूर ५७५ ००३

गुलमोहर: (कविता संग्रह)

फीलोमीना सांफ्रांसिस्को
28-1913, अभ्युदय नगर,
काला चौकी, मुंबई – ४०० ०३३
PH: 09892829339

पर्गटणार : डा. देवदास पै,
रिजिसट्रार, कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी,
लालभाग, मंगळूर–३

पयलो छापो : २०१५
हककां : पर्गटणाराचीं
मुखप्रश्ट : रिया ग्राफीक्स
छापणार : असिस्सि प्रेस, मंगळूर

Gulmohar: (Collection of Konkani poems)

Philomena Sanfransisco,
28-1913, Abhyuday Nagar
Kala Chowki, Munbai - 400 033
PH: 09892829339

Publisher: Dr Devadas Pai, The Registrar,
Karnataka Konkani Sahitya Academy,
Lalbhag, Mangaluru - 575 003

First Edition: 2015
© Publisher
Cover Page: Ria Graphics, Goa
Printed at: Asissi Press, Mangaluru

Price: ₹ 75/-

अध्यक्षाचिं उत्रां

कोंकणी भास, साहित्य, कला, लोकवेद अशें कोंकणेच्या समग्र वाडावळिखातीर कर्नाटक सरकारान कोंकणी अकाडेमी दिल्या. तितलेंच न्हय आसतां करनाटकांत आसच्या ४१ कोंकणी समुदायांक सांगाता हाडन वावुरची जवाबदारियी अकाडेमिची. देकून विविंगड समुदायांच्या व्यक्तींक अकाडेमिचे सांदे जावन सरकार नेमक करता. तांच्या सहकारान हीं सर्व कामां करूंक जातात. सांद्यांच्या हुमेदिन अकाडेमी सर्व लोकाथंय पावोंक सक्ता.

कोंकणेंत वेवेगळ्या प्रकाराचें साहित्य परगटून लोकामेरेन पाववंक अकाडेमी वावुरता. हरयेका मयन्यांत दोन पुस्तकां पर्गटची आमची येवजण आसा.

फिलोमिना सांफ्रान्सिस्को मुंबयांत वस्ती आसून, कता तशें कविता शेतांत कृषी करून आसा. कोंकणी साहित्यासक्तांक हेर गांवच्या कोंकणी बरोवप्यांचें साहित्य वाचूंक दिंवच्या इराद्यान तशेंच राज्या भायल्या हेर बोलिंतलें, हेर लिपिंतलें कोंकणी साहित्य करनाटकांतल्या कोंकणी मनशांक दिंवच्या इराद्यान प्रातिनिधीक जावन हो तिचो देवनागरिंतलो कविता पुंजो पर्गटतांव. हें दिवप–घेवप कोंकणिच्या वाडावळीक तशें प्रमाणिकरणा कुशीन आधाराचें जातलें म्हळ्ळी आमची पातयेणी.

अकाडेमिचें मोबैल कोंकणी बजार येवजणेन एदोळच यशस्वी जोडल्या. कोंकणी लोक आसच्या कोनशा कोनशांक पावोन पुस्तकां आनी सिडिंचो विकरो केला. मोबैल बजार गाडी पावल्ले थंय कोंकणी लोकान भरपूर सहकार दिला. तुमचोय सहकार आशेतां.

समेस्तांक देव बरें करुं.

रोय क्यास्तेलिनो

अध्यक्ष

कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकाडेमी
२०१४-१७ आवदेचे अध्यक्ष आनी सांदे

अध्यक्षः

श्री रोय क्यास्तेलिनो, मंगळूर

सांदेः

डा. अरविंद श्यानभाग, बिजापुर
श्री अशोक कासरकोडू, होन्नावर
डा. चेतन एस. नायक, धारवाड
श्री कमलाक्ष शेट, उडुपी
श्री शेखर गौड, बजपे
श्री जयराम नारायण सिद्धी, यल्लापुर
श्री एम. एम. मीरन, बैंदूर
श्रीमती ममता कामत, मैसूर
डा. वारिजा निरबैल, बंटवाळ
श्री याकूब अह्मदजी, शीरूर
श्री लुल्लुस कुटिन्हा, बेंगळूर
श्री के. देवदास पै, मंगळूर
श्री लोरेन्स डिसोजा, वामंजूर

अधिकारी वर्गः

निरदेशकाचो प्रतिनिधीः

श्री बलवंतराव पाटील, बेंगळूर

रिजिसट्रारः

डा. बी. देवदास पै

अर्थ सदस्यः

श्री चंद्रहास रै, मंगळूर

प्रकाशकाले उत्रां

कोंकणी भाशेचे उदरगती खातीर अकाडेमी, विंगड विंगड रूपारी काम करता आनी विविध रीतिचे वावर मांडूनु हाडता. तांतूनु साहित्य प्रकटणे कामां खूब गरजेचें उरता. कोंकणी अकाडेमिचे अध्यक्ष श्री रोय क्यास्तेलिनो बाब – हाणीं हर एक महिन्यांतु दोन बूक प्रकट करचाक घाल्लीं योजने पर्माणे वेवेगळे बोलिचे, वेवेगळे साहित्य प्रकाराचे बूकां प्रकट जात्त आससा.१ पुस्तक रूपाचे साहित्य लोकांचे हाताक पावल्यारी वाचपा वाडता. बरोवपी खुषी पावतात. चड लोक बोरोवचाक उमेद घेताले. आनी अशी साहित्य शेताचे गिरेस्तकाय चडता. आमची कोंकणी भाशेचे तेज ऊंच पावता.

पुस्तक प्रकटण एक कषटाचे काम, सकडांक गोत्तस्स. बरें साहित्य वेंचून काडचे एक सवाल जाल्यारी, चूक नातिल्ले सोबीत रूपारी बूक छापचे, मदेंतले डी.टी.पी. काम, प्रूफ रीडींग सकड नाजूकेरी चलता. ह्या पूरा काम जावचेथांय हुसको आसता. शृद्धेन ह्या काम कोरचे अकाडेमी टीम आनी तांचे वावर निजाकयी तोकणायिचे.

सकडांकय देव बरें कोरूं.

डा। बी. देवदास पै
रिजिस्ट्रार

मंगळूर
१८–११–२०१५

प्रस्तावना

मायेच्या उमाळ्याच्यो कविता

अखिल भारतीय कोंकणी परिशदेच्या अधिवेशनांनी, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य संमेलनांनी आनी कोंकणी संबंदान उत्सव – कार्यावळी जातात तांतूंत वांटो घेवपी वावुरप्यांक, साहित्यिकांक आनी साहित्याच्या रसिकांक फिलोमीना सांफ्रांसिस्को हें नांव अणवळखी न्हय. संमेलनांनी आनी महोत्सवांनी वांटो घेवपी फिलोमीनाबाय वावुरप्यां मदली एक तशीच साहित्यिकां मदलीय एक. रावता मुंबय पूण संमेलन वा अधिवेशन गोंयांत आसूं वा मंगळूर वा कोचींत आसूं फिलोमीनाबाय प्रतिनिधी म्हूण हाजीर रावताच. ह्या ताच्या नेमाची हेर जायत्या प्रतिनिधींनी सदांच तोखणाय केल्या.

फिलोमीनाबायचीं आतां मेरेन चार पुस्तकां उजवाडा आयल्यांत. तांचे मदीं दोन पुस्तकां काणयांचीं आसात, एक आसा कवितां झेलो आनी एक पुस्तक आसा बंगालींतल्या काणयांच्या कोंकणी अणकाराचें. 'गुलमोहर' हो तांचो दुसरो कवितां झेलो. कविता बरोवपा वांगडाच काव्य – वाचनाचीय कला तांच्या आंगांत आसा. वेगवेगळ्या निमित्यांनी जायत्या जाणांनी तांचें कविता वाचन आयकलां.

'गुलमोहर' ह्या झेल्यांतल्या कवितांक हांव 'मायेच्या उमाळ्याच्यो कविता' अशें नांव दीन. हाचें कारण, ह्या कवितांनी नदरेंत भरता तो मायेचो उमाळो – तरेकतरांचे रंग घेवन आयिल्लो. 'मनाचें नातें' हे कवितेंत उमाळ्यांतल्यानूच प्रस्न जल्म घेतात आनी फिलोमीनाबाय विचारता :

रगताचें नातें नासतना
मनाचें नातें जुळोवन
इश्टागतीचो रोंपो रोयलो; तर
रोंपो हो इश्टागतीचो
खोशेच्या उमाळ्यांनी
कित्याक हांवें शिंपचो न्हय?

उमाळो तरेकतरांच्या रंगांचो अशें हांवें म्हळां; कित्याक तर ह्या कवितांनी माया

तरेकतरांचीं रुपां घेता. केन्ना ती आवयची माया आसता; केन्ना इश्टागतीचें निसुवार्थी नातें आसता; तर केन्ना तीच माया हय – न्हयशा मोगाचें रूप घेता. आवयच्या काळजांतले मायेचीं एक भोव बरी देख 'वाट तुजी पळेत आसां' हे कवितेंत मेळटा :

तरूय पुता
आस्त आसा
परतून तूं
येतलोय घरा
देखून–
आनी देखुनूच हांव
काळजांतलें म्हज्या गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

ह्या झेल्यांतल्यो कांय कविता भुरग्यां खातीर बरयल्ल्यो आसात. त्यो कविता आनी तांचे विशय भुरग्यांक आवडपा सारकेच आसात. पती खातीर 'राणीची बाग' हे कवितेंतलें हें एक कडवें :

वाग खातालो मासाचो गुळो
खातां– खातां थेंकोर घातलो
मिश्टूक दिसलें आपल्याचेर थेंगसो घालो
बाबड्याचो जालो मोटोच घोटाळो

फिलोमीनाबायन कांय कविता छंदांत रचल्यात; तर चडश्यो मुक्तछंदांत आसात. ह्या कवितांनी मनशांच्या मनांचें निरिक्षण मेळटा आनी त्या निरिक्षणांतल्यान कवियत्रीन अळंग उखलून काडिल्लो उमाळो वाचप्याचेंय मन सांसपिता. कोणाक सैम पिशें लायता; तर कोणाक सरभोंवतणी मनशांचो जो वेव्हार चलता तातुंतल्यान सबावांची विविधताय साद घालता. मुंबय सारक्या महानगरांत रावपी लेखक वा कवी सैमा परस मनीस – सबावाचो, मनशाच्या उमाळ्यांचो, उत्फक्र्यांचो आनी तांच्या सुखा–दुखाचो चड खोलायेन अभ्यास करता आनी त्या अभ्यासाचें पडबिंब ताचे बरपावळींत पडटा. कोंकणी कविता गिरेस्त करपाचो होवूय एक मार्ग. फिलोमीनाबायन तो वेंचून काडला आसत जाल्यार तांकां परबीं दिवन तांचें योगदान फळादीक जावचें अशी आस्त आमी धरूंया.

– उदय भेंब्रे

बरोवप्याचें मनोगत...

भुरग्याचें मोनें उलोवप आवयक समजता. तशेंच कितें बाबूचें आनी म्हजेंय बी. बाबूक आनी म्हाका उलोवपाक सदांच उतरांच जाय अशें ना. कांय खिण अशे आसतात, की जेन्ना आमकां जें उलयनासतना सांगपाचें आसता, तें आमचें मोनें उलोवप सांगून सोडटा. सहजपणीं. अशा वेळार उतरांच्या उतरावळीची आमकां बिलकूल गरज पडना. काळजांतल्यो भावनां प्रकट करपाक आमचें मोनें उलोवप आमकां पुरो जाता.

बाबू म्हजो भाव, अँथोनी; म्हज्या परस धाकटो. पिरायेन म्हज्या परस ल्हान, पूण गिन्यानान मात व्हड. तशें पळोवंक गेल्यार बाबू हेरां परस वेगळो थारता. खूब सर्जनशील तो. Creative कामां करपाक बाबूक आवडटात; आनी करताय बी. तितलेच सहनशिलतायेन. आनी काम सोंपतोकूच त्या कामांतली कुसकुटा येदी लेगीत चूक सांपडांवची म्हणल्यार सांपडना. बाबूचो आनीक एक सांगपा सारखो गूण म्हणल्यार, बाबू कोणाकूय मदत करपी. आतां तांतूंत व्हडलेंशें कितें आसा? अशें दिसूंक शकता; कित्याक, दुसऱ्यांक मदत करपी जायते मनीस आसात आमचे भोंवतणी. पूण आपलो फायदो पळेनासतना मदत करपी मात थोडे. आनी तातूंतलो एक म्हणल्यार, बाबू. बाबून कोणाचीय मदत करची ती मदती खातीरूच; आपल्या आदावा खातीर न्हयच. ताच्या सभावांतूच ना तें.

बाबूचो सभाव वेगळो. कोणाचे गरजेक आकांताक पावना तो बाबू कसलो? हे बाबतींत एके गजालीचो उल्लेख करीनसो दिसता. म्हज्या जिवितांतल्या गोड-कोडू यादींतली एक कोडू याद ही-

एका वेळार म्हजेर असो एक दुर्दैवी प्रसंग आयलोलो, त्या प्रसंगान म्हज्या जिविताची दिशा बदलून उडयलेली. त्या प्रसंगान म्हज्या जिविताच्या आंगणांत लकलकतले दिवे एकाच झटक्यान पालोयलेले. त्या प्रसंगान म्हज्या जिवितांत व्हांवतले खोशालकायेचे झोरीचे वाटेर निराशेचे आडांबे घातलेले. तो प्रसंगूच असो आसलो, की उजवाड सोडूच, पूण उजवाडाचें एक किर्ण लेगीत झळखनासलें. पयस - पयस मेरेन काळोख, आनी फक्त काळोखूच दाटून दिसतालो. म्हज्या जिविताची बुनयादूच कोंसोळ्ळेली.

म्हज्या ह्या आकांताच्या वेळार म्हजे जिणेंत एकूच दिवो पेटलो आनी फोलेर कसो चमकलो; भिरांत पयस केली आनी भरवंसो म्हाका दिलो; निराशेक धांवडायली आनी

म्हजो जीव आशेन भरलो; दिशेक दिशा दाखयली आनी संवसार म्हजो राखलो. हो दिवो म्हणल्यार म्हजो भाव, बाबू. काळखान भरलेली जिविताची वाट म्हजी रसरशीत उजवाडान भरपी म्हजो भाव, बाबू. वादळ – मोडान उचांबळ जाल्ल्या म्हज्या जिविताच्या दर्यात उमेदीचीं ल्हारां हाडून जिविताचो म्हज्या एक – एक खिण अर्थाळ करपी म्हजो भाव, बाबू. म्हज्या काळजाच्या आंगणांत तांबडींगुंज फुलां शिंवरावपी गुलमोहर म्हजो भाव, बाबू. आनी देखुनूच बाबू हेरां परस वेगळो थारता.

बाबून म्हजेर केल्ल्यां उपकारांचें मेज–माप ना. हांव बाबूचें कितलें उपकारी तें ताका सांगूंक म्हजे कडेन उतरावळूय ना. पूण उतरावळीची कसली गरज? कितें सांगपाचें आसा, आनी कितें आयकूपाचें आसा तें आमचें मोनें उलोवप समजून घेतलें.

उपकार आठोवपा खातीर हीच संदी घेवन म्हजो हो 'गुलमोहर' कविता – संग्रह उजवाडाक हाडपा खातीर हांव कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमीक दिनवासतां.

पुंडलीकबाब नायक, हांचेविशीं सांगचें म्हणल्यार, साहित्यीक मळार आयज हांव जंय आसां, थंय मेरेन म्हाका पावोवपा खातीर तांचें हांव सदांच उपकारी.

ॲड्. उदयबाब भेंब्रे तांकांय हांव काळजांत सावन देव बरें करूं म्हणटां. तांच्या असल्या मानकारान म्हज्या कविता संग्रहाक प्रस्तावना बरोवपाक हयकार दिलो तेन्ना म्हाका खूब खोस भोगली.

म्हजे साहित्यीक जिणेच्या प्रवासांत फुडें – फुडें चलपाक, चलत रावपाक म्हजें बरें मागप्यांनी म्हाका उमेद दिल्या आनी दियत आसात, तांच्या एक एकल्याच्या उपकारान हांव सदांच आसतलीं.

आनी, म्हजेर अगणीत उपकार करून म्हजें जिवित आशिर्वादांनी भरलेल्या म्हज्या देवाक हांव सरपट पडून नमस्कार करतां आनी आर्गां दितां.

आनी शेवटीं, हो म्हजो कविता संग्रह तुमच्या, म्हज्यां मोगाळ वाचप्यांच्या काळजांच्या आंगणांत पावोवपाक म्हजें काळीज खोशेन उमाळ्यांनी भरता. 'गुलमोहरा'न शिंवरायल्लीं तांबडींगुंज फुलां तुमच्याय काळजाच्या आंगणा मेरेन पावचीं आनी तुमकांय उमेदीन भरचीं.

देव बरें करूं.

– फिलोमीना साँफ्राँसिस्को

बाबू...

अँथोनी
म्हज्या काळजाच्या आंगणात
तांबडीगुंज फुलां शिंवरावपी
गुलमोहर तूं!
तुकां.

– बाय (फिलू)

मांडावळ

1.	बाबूक राख	1
2.	भाव आसचो जाल्यार	2
3.	हारश्याचें देणें	3
4.	मनाचें नातें	4
5.	दायजाचें घर	6
6.	पासकांचो आयतार	8
7.	जिवीताचो पेलो	9
8.	भांगराची मास्कोत	10
9.	पांयवाट	11
10.	आयज ना तर फाल्यां	12
11.	स्वार्थाक वखद आसा?	14
12.	जागो आडायलो	15
13.	काम जालें वैज मेलो	16
14.	ताका हांव पळोवन घेतलींच	18
15.	वाट तुजी पळेत आसां	20
16.	चुकीची माफी	23
17.	असलेंय बी दवरणें	24
18.	उमेदीचीं ल्हारां	26
19.	जळटी मेणवात	27
20.	भरती	28
21.	शेणलेलीं पावलां	29
22.	उपकारांचें फारीकपण	30
23.	नशीबाचे भोग	32
24.	रुप अंतसकरणाचें	33
25.	बळीचो बोकडो	34
26.	फुलांचो परमळ	36
27.	जिविताचे वाटेर	37
28.	मांय	38

29. इश्टागतीचें बलीदान 40
30. चीट येतली म्हूण 41
31. उगडास येता गे मामा? 42
32. प्रॉपर्टी 44
33. शीण 46
34. काळ हो असो 48
35. लाचारी 49
36. बेसांव 50
37. कशें कळटलें? 52
38. सगळेच रडटात 53
39. सगळेच हुसकेतात 54
40. सगळेच खंती 55
41. सगळेच करतात शीण 56
42. कोण दुखी, कोण सुखी 57
43. जिवित हें अशें 58
44. संवसार खंय पावला? 60
45. दोत 62
46. रडगाणें 64
47. अकस्मात एक दीस आयलो 66

बालविभाग
मिण्टू-चिण्टूच्यो कविता

1. धाकटुलें मिण्टू 71
2. मिण्टूचें शाईन 72
3. ट्री हाऊस 73
4. राणीची बाग 74
5. मिण्टूचो हावेस 76
6. चिण्टू 77
7. गौरव 78
8. पतंग 80

1.

बाबूक राख

देवाक सांगलें हांवें;
“देवा, बाबूक राख.”
म्हाका म्हळें देवान;
“ तें तर हांव सदांच करतां,
आनीक कितें जाय, माग.”

2.

भाव आसचो जाल्यार

एक एक खिण आसचो
तो सुखाचो,
एक एक दीस आसचो
तो संतोसाचो,
एक एक म्हयनो आसचो
तो खोशालकायेचो; आनी
कोणाकूय भाव आसचो
तो, बाबू ओसलो.

3.

हारश्याचें देणें

हारश्यांतलो रूपकार म्हजो
हांसत-हांसत म्हुणो लागलो :
सदांच अशेंच
हांसत राव,
खोशाल राव,
हारश्यान दिल्लें
देणें हें
जगाक सगळ्या
वांटीत राव

4.

मनाचें नातें

खोशेचो दीस तो ताचो,
तितलेच खोशेचो
म्हाकाय बी;
आनी, कित्याक आसचो न्हय?
जाणें म्हज्या आकांतांत
म्हज्या आकांता येदो
वांटो घेतलो;
माथ्यावयलो म्हज्या
दुखाचो जोड भोरो
समॅरीटन जावन उबारलो;
कश्टांचो हुंवार
लोटोन म्हजेर आयलो तेन्ना
मदतीचो बांद बांदून
हुंवाराचो लोट आडायलो;
अडचणीच्यां कुपांतल्यान
पार हांवें जावपाक
सातूय रंगां सयत
इंद्रधोणू म्हाका दाखयलो;
रगताचें नातें नासतना
मनाचें नातें जुळोवन
इश्टागतीचो रोंपो रोयलो; तर
रोंपो हो इश्टागतीचो
खोशेच्या उमाळ्यांनी
कित्याक हांवें शिंपचो न्हय?
खोशेंत ताचे

इश्टागतीची भर
कित्याक हांवें घालची न्हय?
देखून,
खोशेच्या त्या दिसा
इश्टागतीचें प्रतीक समजून
भेट वस्त ताका हांवें
मनापासून भेटयली;
तर, म्हुणो लागलें;
''खूब किमती मगो?''
आतां हाका हांवें
समजांवचें तरी कशें?
हांवें म्हळें :
''हय, किंमती, खूब किमती,''
''कितली?''
''कितली? सांगूं कितली?
तुजे इश्टागतीपरस
सुबेज किंमती
न्हय गो ती.''

5.

दायजाचें घर

दायजाचें ताचें घर तें
पूर्वजांनी ताच्या बांदलेलें
कश्टांच्या चिऱ्यांनी उबारलेलें
फुडाराच्या सपनांनी नेटयलेलें.

कपलावयलो घाम लेगीत पुशीनासतना
दीस रात म्हण कांयच पळयनासतना
रगताचें उदक ताणीं केलेलें
काळजांतल्या आपल्या मोगान सजयलेलें.

काजू आंब्यांनी घर रेवडलेलें
झाडां माडांनी श्रृंगारलेलें
भुरग्यांच्या किलकिलाटांत जिवाळ आसलें
उमेदीच्या ल्हारांचेर उफेतालें.

अकस्मात उमेदीर पूर्वजांचे विर्जन पडलें
पणटुरान तांच्या ओमत्या कळश्यार उदक केलें
नोटांच्या बंडलांक भुलोन ताणें
पूर्वजांच्या आसपतीचें निसणटण केलें.

तरूय, ताच्या काळजाची तार झिणझिणली ना
जीव ताचो बिलकूल आकूळ पिकूळ जालो ना
पूर्वजांची आपल्या याद मिटयताना
दोळ्यांनी ताच्या दुखां गळयलींना.

पूण, जेन्ना सगळीं दारां बंद जालीं
तेन्ना पूर्वजांचे घर ताका जळखलें
आपलें खरें असतीत्व ताका येवजलें
वाट घरची तांकूक ताणें चिंतलें.

पूण, वाटेची लांबाय कोणें मेजल्या?
तरूय आंकांतान तो आतां चलत आसा, चलत आसा,
पूर्वजांची आपल्या याद काडीत आसा, काडीत आसा,
शेणलेल्या आपल्या घरची वाट सोदित आसा, सोदित आसा.

6.

पासकांचो आयतार

म्हज्या म्हाकाच
म्हणलें हांवें :
हांव अशीं कित्या बेजार?
रात दीस, दीस रात
माथ्यार ह्या म्हज्या
चिंतनांचो कित्याक भार?
अडी-अडचण्यो,
कश्ट, दोग्द,
विगनां-अरिश्टां,
वादळ-मोडां
म्हज्याच कित्याक बोडार?
संवसारांतलें सगळें दुख
म्हज्याच वांट्याक कित्याक?
उमाणें हें सोडोवपाक
नासलो म्हाका थार;
मागीर, मनार म्हज्या
पडलो उजवाड,
कळ्ळें म्हाका
नासलो जाल्यार
निमाणे सुकरार,
उदेंवचो नासलो
पासकांचो आयतार.

7.

जिवीताचो पेलो

जिविताच्या पेल्यांतली
दुखाची कोडसाण
पियेत, पियेत
हांव जगलीं;
पूण, त्याच पेल्यांतली
सुखाची गोडसाण मात
चाकुंकूच विसरलीं.

8.

भांगराची मास्कोत

डॅडी, म्हजी मास्कोत शेणली,
हुंबऱ्या भितर पांवळ घालतनाच
दुख म्हजी हांवें उत्तायली;
कितली सोबीत ती दिसताली,
पांच हजारांची ती आसली,
म्हज्यां कश्टांच्या दुडवांची,
देखूनूच तिका किंमत आसली,
दुडवां परसूय
कितलेच तरी पटींनी
काळजांतल्या म्हज्यां
अमळीक भावनांची;
आनी देखुनूच
पांच हजारांच्या मास्कोतीची
दुख म्हाका जाली ती
पंदरा हजारांक सर करपाची;
मागीर चिंतलें हांवें
मास्कोत तर शेणलीच शेणली
कोणाक तरी ती आसाच मेळपाची; तर
कोणूय गरजेवंताक ती मेळूं दी,
गरज ताची भागूं दी,
पांच हजारांचे मास्कोतीचें
दुख पंदरा हजारांचें
कडेक हांवें दवरूं दी,
आनी, कोणाचे तरी खोशेक
निमीत हांव जाल्ल्याचें
सूख म्हाका लाबूं दी.

9.

पांयवाट

कोणाच्या तरी
पांवलांच्या पांयवाटेंतल्यान
आयज मेरेन हांव
दिशाभूल जायनासतना
चलत रावल्यां
चलत आसां,
निशाणी म्हज्या पांवलांची
तेच पांयवाटेंत हांव
दवरीत चलतां;
कित्याक,
म्हज्याय बी
पांवलांचे पांयवाटेंतल्यान
कोणेंय तरी फाल्यां
दिशाभूल जायनासतना
चलत वेचें म्हूण.

10.

आयज ना तर फाल्यां

आयज ना तर फाल्यां
फाल्यां ना तर परवां
केन्ना तरी एक दीस
आल्तडी सावन पल्तडी हांवें
वचुंकुच जाय.

बऱ्या वायट कर्तुबांचो
कोंत हिशेब हांवें
देवा फुड्यांत
मांडुंकूच जाय;
मांडलेल्या ह्या
हिशेबाचो म्हज्या
कसलो तरी फैसलो
जावंकूच जाय;
आयज ना तर फाल्यां
फाल्यां ना तर परवां
केन्ना तरी एक दीस
आल्तडी सावन पल्तडी हांवें
वचुंकूच जाय.
तर,

मरणाच्या हुसक्यान जगपाची
टाळणी हांवें
टाळूंक जाय,
हुसक्यांचे आडांबे
लोटून, धुकलून हांवें
उडोवंक जाय,
तेच आडांबे घेवन
मरणाचे फाटीक हांवें
लगूंक जाय;आनी
मरणान म्हजी फाट
धरचे आदीं
जिवित म्हजें हें
दोन-चार दिसांचें
थाटामाटान हांवें
जियेवंक जाय;हय
थाटामाटानूच हांवें
जियेवंक जाय.

11.

स्वार्थाक वखद आसा?

गरजेक तुजे हांव
खरेंच येतलीं गो,
आकांताक तुज्या हांव
नक्कीच पावतेलीं गो,
मदतीक तुज्या हांव
हात फुडें करतलीं गो;
वेळ मात म्हाका मेळ्ळ्यार, हां!!!!
अशें म्हळां म्हूण
वायट बिलकूल धरीनाका.
पूण,
म्हजे गरजेक तूं
धांवून, धांवून ये गो,
म्हज्या आकांताक तूं
पाखोटे लावन उडोन ये गो,
म्हजे मदतीक तूं
हात फुडें करूच गो;
''वेळ ना'' मात म्हुणोनाका, हां!!!
म्हजीच उतरां
तोंडार म्हज्या मारीनाका.

12.

जागो आडायलो

ताणे तो शेताचो कुडको पळयलो
पळयतनाच ताच्या मनांत तो गेलो,
फाटीं फुडें कांयच पळयनासतना
फुडली चौकशी कसलीच करीनासतना
कोणाच्या तरी नांवावयलो
शेताचो कुडको ताणें तो
आपल्या नांवार केलो; जागो आडायलो.

फुडें, ताका भाटाचो कुडको दिसलो
उपरांत शेजाऱ्याच्या घरा कुशीचो
आयस पायस ओट्टाचोय कुडको दिसलो;
विचार पाचार आनीक करीनासतना
जमनीचे हे सगळे कुडके तो
आपल्या नांवार करीत गेलो,
जागे आपले खातीर आडायत रावलो
हुसक्या विणें जियेत आसलो.

एक दीस अकसमात तो मेलो,
मेलो, आनी उबोंत पडलो,
उबोंत पडलो, आनी चिंतुंक लागलो,
जागो आडायलो तो पापया, खंय म्हूण आडायलो?
जंय जागो सांबाळूंक जाय आसलो,
जंय सासणांक जागो आडावंक जाय आसलो,
ताचो ताणें चुकून लेगीत
मात्तूय विचारूच करूंक नासलो.

13.

काम जालें वैज मेलो

दुयेंत पडटकूच
आकांताच्या वेळार,
एकांतांत साररेल्या वेळार
पयलो उगडास येवचो तो
सर्गींच्या दोतोराचो - देवाचो;
मागीर हांवें देवाक
पराथचें, विनवचें, सरपट पडचें,
सामकीं भावीक जावन
देवाक हांवे म्हणाचें :
''म्हाका पाव देवा,
म्हाका बरें कर देवा,
वाती तुकां पेटयन देवा,
फुलां तुकां घालीन देवा,
मिसां तुकां भेटयन देवा,
पूण एकदां हांतूंतलें
निवार म्हाका;''
पूण जाता कितें?
काम जालें, वैज मेलो, तशें;
देवाचें सांगणें आयकूंक
कान म्हाका खंय आसात?

जिविताच्यां राटावळींनी
कान म्हजे भेरेल्यात,
हें काम, तें काम
करता म्हुणसर
वेळ म्हाका पावना,
एकांतांत वेळ सारूंक
वेळूच म्हाका मेळना,
तर, देवाचें सांगणें
कान दिवन हांवें
केन्ना म्हण आयकूंचें?
केन्ना?
परत एकदां दुयेंत पडटकूच?
हय? परत एकदां दुयेंत पडटकूच?

14.

ताका हांव पळोवन घेतलींच

वाऱ्यार चड उडटा तें
जमनीर पायें दवरीच ना,
बंगल्याचें, गाडयेचें
धन दौलतीचें, सगळ्याचेंच
प्रदर्शन करता,
दौलतीची मूर्तीच
आपल्याक समजता;
म्हाका किंकोंत करूंक
एकूय संदी सोडीना;
शेजार्न जाली म्हूण कितें जालें?
ताका हांव पळोवन घेतलींच.

अऽसोऽऽ बोवाळ घालता,
दनपार, रात म्हूण पळयनासतना
भलायकेचें जाणट्यांचे
मात्तूय चिंतीनासतना
कितलेंय समजावन सांगल्यार लेगीत
डेकीचो व्होल्यूम उणो करीना;
म्हज्या दुखांत तें
आपलें सूख मानता,
आनीकूय खोशेन मुरगट्टा
शेजार्न जाली म्हूण कितें जालें?
ताका हांव पळोवन घेतलींच.

दर एका दिसा तें
कसलीच परवा करीनासतना
नव्यो नव्यो येवजण्यो
येवजीत रावता;आनी
वेव्हारांतूय घालता,
आपलो कोयर-कचरो काडून
म्हज्या आंगणांत शेवटीता,
आपलें आंगण साफ सांबाळटा,
पूण काळजाचें आपलें आंगण
साफ सूफ सांबाळपाची
अक्कल ताका नाच ना.

ताका तर अक्कल नाच; पूण
म्हजी अक्कल खंय गेली?
हांवें ताची अक्कल काडल्यार
हांवें ताका बुद शिकयल्यार
हांवें ताका ताचो जागो दाखयल्यार
हांवें ताचो सूड घेवंक चिंतल्यार
हांवें ताका ''पळोवन घेतल्यार''
ताका हांव पळोवन घेतलींच म्हळ्यार
ताच्यांत आनी म्हज्यांत फरक खंय उरलो?

15.

वाट तुजी पळेत आसां

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

तूं राखताय
देस आमचो,
तूं अर्पिताय
जीव तुजो; आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

तूं देखताय
दारू गुळो,
तूं सोसताय
शिंयांचो कुलकुलो; आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

तुं भोगताय
भुकेचे वळवळे,
तुं अणभवताय
घायांचे मिरमिरे; आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

केन्ना येतलोय
खबर ना,
येतलोयच म्हूणोनूय
खातरी ना आनी हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

तरूय पुता
आस्त आसा,
परतून तूं
येतलोय घरा; देखून
आनी देखूनूच हांव

काळजांतलें म्हज्या
गीत गावूंक
वाट तुजी रे
पळेत आसां.

16.

चुकीची माफी

चूक म्हजी ओळखून
माफी तुजी मागली हांवें;
माफी तर तुंवें
दिलीच ना; मात
उतरांचे तरसादीन
चिरलेंय म्हजें काळीज.

17.

असलेंय बी दवरणें

तेदूस म्हाका
सपन पडलें,
सपनातूय बी
जिवितांतल्यां कश्टांनी
म्हाका पीडलें,
उठोंक शक्ति दवरली ना
इतलें म्हाका चेपलें,
उठोन उबें रावुंक
हांव धडपडटाना
दामून म्हाका दवरलें;
पूण हांवें धीर सोडलोना
मनांतल्या मनांत हांवें
देवाक प्रार्थन केलें;
सगळ्यां ह्या विघ्नातलें
निवारूंक म्हाका मागलें;
आनी अजाप, खरेंच अजाप,

जालें कितें?
देवान दोनूय हात आपले
फुडें केलेत, आनी
कश्ट सगले म्हजे
हातांचेर आपल्यां
दवरूंक खुणायलें;
थकलोलो वाटसूर जशें
वजें आपल्या माथ्यावयलें
दवरण्यार दवरता तशें,
कश्ट म्हजे हांवें
देवाच्या हातांचेर दवरलेत;
ताचे उपरांत जीणें म्हजें
हलकें हलकें जालें,
जिविताचे वाटेर म्हजे
विसव इलो घेवपा खातीर
देवान म्हाका दिलें
आपल्यां हातांचें दवरणें.

18.

उमेदीचीं ल्हारां

काळजांतलो म्हजो मोग तूं
मोगांतलें म्हजें अमृत तूं;

दोळ्यांतलो म्हजो आरसो तूं
आरश्यांतलो म्हजो रूपकार तूं;

नदरेंतलें म्हजें मळब तूं
मळबांतलें म्हजें नखेत्र तूं;

सुखांतलो म्हजो हांसो तूं
हांश्यांतलें म्हजें धादोसपण तूं;

जिणेंतलें म्हजें सपन तूं
सपनांतलो म्हजो सर्ग तूं;

निराशेंतली म्हजी आशा तूं
आशेंतलो म्हजो उजवाड तूं;

हुसक्यांतलो म्हजो भरवंसो तूं
भरवांश्यांतलें म्हजें थिकाण तूं;

कुडींतलो म्हजो स्वास तूं
जिवितांतलो म्हजो जीव तूं
म्हजें जिवितूच तूं.

19.

जळटी मेणवात

जळटे मेणवातीपरीं
हांवेंनूय बी
जिवीत म्हजें
पेल्या खातीर
कित्याक म्हूण
जळंवचें न्हय?
मेणवातीन दिल्ली
शिकवण हांवें
कित्याक म्हण
शिकची न्हय?

20.

भरती

मोगान तुज्या,
जिणेंत म्हजे
उजवाड फांकारून
एक-एक दीस
सूर्यापरीं
परजळीत केला.

मोगान तुज्या
तोंडार म्हज्या
हांसो खेळोवन
एक-एक खीण
म्होंवा परीं
म्होंवाळ केला.

मोगान तुज्या
जिवितांत म्हज्या
मोग भरला
वोतोसर भरला
जिवितांत म्हज्या
भरती हाडल्या.

21.

शेणलेलीं पावलां

शेणलेलीं तुजी पावलां
काळजाच्या म्हज्या दारार
केन्ना तरी परत
येतलीं म्हूण
आस्त धरून
वाटेक दोळे लावन
बसल्यां हांव.

22.

उपकारांचें फारीकपण

एकले एकसुरेन तिणें
दुखीं खंतींनी
दीस आपले धुकलून
दोळ्यांतल्यान दुखांच्यो
झोरी व्हांवोवन
हुसके शीण आपले
शेजाऱ्यांक सांगून
सासणाक दोळे धांपले.

पूण तुकां ताचो
फरक रे बिलकूल पडलोच ना
दुदाचें तिच्या
मोल तुकां केन्ना
गोमलेंच ना;
भावनांची तिच्या
किमत तुकां केन्ना
कळ्ळीच ना.

देखूनुच तूं आयज
वर्साच्या तिच्या मिसाच्या निमतान
इश्टांच्या सांगातान
नाचता, उडटा,
सोरो धोंकता
नशेच्या नादार
हांश्यांचो तूं
खळखळ करता.

मनाक रे तुज्या
तूं आवरीनासतना
भीडा रे कसलीच
तूं धरीनासतना
अनुपकारी जावन तूं
त्यागांचो तिच्या
मसकऱ्यो करता
मर्णाचो तिच्या
तमासो करता.

लज पेज नासतना
शिंमऱ्या भाशेन रे
अंतसकर्ण तुवें
कोणाक विकलां?
उपकारांचें फारीकपण
अनुपरकारी जावन
बेमान जावन
कित्याक रे
फारीक करता?

23.

नशीबाचे भोग

आटेविटे जिविताचे
भोग ते नशीबाचे,
कितलेय धांवडायल्यार लेगीत
सोडीनात फाट कशीच,
कितलेय घातल्यार धुकलून
लागतात फाटीक हात धुवून,
आनी जितल्या फोरसान पयस धुकलीत
तितल्याच नेटान मारतात सोयती;
जशें ओडून ताणून धरलेलें गेटेर
सट्ट करून सुटचें, आनी
हातांचेर येवन आपटूंचें तशें.

24.

रूप अंतसकरणाचें

वणटीवयल्या हारश्यांत
तोंड हांवें पळयलें, आनी
रूप म्हज्या अंतसकरणाचें
दोळ्यां मुखार आयलें.

25.

बळीचो बोकडो

लाचारीचो ताचे फायदो घेवन तो
सासणाचो ताका आपलो गुलाम करता.

सहजपणीं नांव ताचें तो
वाड्यार उबोवन मेकळो जाता.

ताणें करूंक नासलोलो गुन्यांव तो
थापून ताचेर कुशीक सरता.

पातकाची आपल्या ख्यास्त तो
निरपराध्याक त्या भोगूंक लायता.

चुकीचे आपले फारीकपण तो
ताचे कडल्यान फारीक करून घेता.

लिपचोरयां केल्ल्यां नाडपणांचो तो
बळीचो बोकडो ताका करता.

गुन्यांव ताचो नासतना तो
खुरसार त्या निर्भाग्याक खिळायता.

जगूंक सुरवात करचे आदींच तो
जीण त्या बाबड्याची उद्वस्त करता.

मरण ताचेर येंवचे आदींच तो
मरणाचें फरमण ताका मारता.

ताचें मन सांगत तें तो करता
ताका जाय तें तो करीत रावता.

आनी हांव?
हांव कितें करतां?
दोळ्यांनी सगळें पळोवनूय बी
हात कोंवळून ओगीच बसतां,
बंधनांचीं म्हज्यां निबां दिवन
आवाज उठोवंक बेपरवा करतां,
काळ्यां कर्तुबांचेर ताच्यां
पड्डो वोंडूक मदत करतां,
म्हाका करूंक जाय आसलें तें
करूंक हांव फाटीं रावतां,
अंतरसकर्णाक म्हज्या सतायता तें करूंक
हांवूच म्हाका कित्याक आडायतां?

26.

फुलांचो परमळ

परमळीत परमळान
परमळटेलीं फुलां
जिविताचे बागेंत तुजे
सदांच फुलूं दी;
दमदम फुलांचो ह्यां
जिणेंत तुजे
शेकानशेक पसरूं दी;
दर एक खिण तुजो
दर दिसा
रसरशीत जांव दी.

27.

जिविताचे वाटेर

कांट्यां खुंट्यांनी भरलेले
जिविताचे वाटेर म्हजे
एकूच रसरशीत फूल फुल्लां.

काळोखी काळोकान भरलेल्या
संवसाराच्या रस्त्यार म्हज्या
एकूच लकलकीत दिवो पेटला.

निरशेल्ल्या, सुकलेल्या, बावलेल्या
अंतसकर्णांत म्हज्या
एकूच आशेचें किर्ण फांकारलां

हें किर्ण
हें फूल
हो दिवो, तो
तूं.

28.

मांय

मांयन जल्मांत म्हाका हाडलें
आपलें दूद म्हाका पिवयलें
रगताचें आपल्या उदक केलें
ल्हानांतलें म्हाका व्हड केलें.

पावसाच्या व्हरांदारींतल्यान
कांट्यां खुट्यांच्या वाटेंतल्यान
वाट काडीत रावन मायन म्हजे
थिकाण्यार म्हज्या म्हाका पावयलें.

सुख दिलें, समाधान दिलें
कुरपेन भरलेलें आपलें बेसांव दिलें
संवसारांतलें व्हडलें देणें दिलें
मागनासतना म्हाका जिवीत दिलें.

जिवितांतलीं मोडां झेलूंक
धिटायेचें म्हाका बळगें दिलें
पुस्तकांनी शिकोवंक नज तितलें
आपले देखीन म्हाका शिकयलें.

जिणेचें व्हडें तांडूंक
विसवासाचें म्हाका बळ दिलें
कश्टांचे दोंगोर चडूंक
मनाक म्हज्या उत्तेजन दिलें.

शेवटीं मांयच्या जिविताची दोरी
पिडेची तलवार कातरीत रावली
हॉसपीटलांत मांय यो वच करी
प्रत्तेक पावट परत घरा येताली.

पूण पिडेन मांयची फाट सोडली ना
हॉसपीटलाचें दर्शन तिका
घडयल्या बगर रावली ना
हे पावट मात मांय परत घरा आयली ना;
मांय परत घरा आयलीच ना.

29.

इश्टागतीचें बलीदान

तें आसतालें थंय हांव
आनी हांव आसतालीं थंय तें,
केन्नाय कांटो ताका तोपल्यार
दुखोवतालीं तीं हांव
आनी अशीं हांव दुखोवल्यार
खिणातूच दुखोवतालें तें;
नातें हें आमचे इश्टागतीचें
कोणाचीय दिश्ट लागपा सारखें आसलें;
पूण दीश्ट कोणाचीय लागचे आदींच
आमीच आमचें निसटण केलें,
तिसऱ्या मनश्याचेर विस्वास दवरून
उतरां ताचीं साखर समजून
वीख एका मेकाक आमी पिवयलें,
सुख इश्टागतीचें आमी इबाडलें
नातें सासणाचें तोडून उडयलें
इश्टागतीचें आमचे बलीदान दिलें.

30.

चीट येतली म्हूण

चीट तुजी
येतली म्हूण
वाटेक रे
दोळे लावन
बसलीं हांव.

आयज येतली
फाल्यां येतली,
वाट पळोवन
दोळे म्हजे
वळ्ळे रे.

पूण चीट तुजी
घरची म्हज्या
वाट चुकली,
आयज लेगीत
आयलीच ना.

31.

उगडास येता गे मामा?

केन्ना तरी तुकां
उगडास म्हजो
येता गे मामा?

बायेक उंडी भरयतना
भोभो ताका खावयतना,
बायेक उदक न्हाणयतना
आंग ताचें पुसतना,
बायेक पावडर मारतना
परमळ ताचो हुंगताना,
बायेक मांडयेर बसयतना
काणी ताका सांगताना,
बायेक खांदार न्हिदयतना
सकाळीं ताका उटयतना,
बायेचे केंस उगयतना
तांबडें लीग लायतना,
बायेक शाळेंत व्हरतना

ए, बी, सी, ताका शिकयतना,
बायेक मोटोरांत भोंवडायतना
एस्सेलवर्ल्ड ताका दाखयतना,
बायेक ड्रेस शिंवताना
नवे मोचे हाडटना,
बायेक वेंगेंत धरतना
किशू ताचे घेतना,
बायेचे लाड करतना
उगडास म्हजो येता गे मामा?

जल्म म्हाका दिवंक ना म्हण
गील्टी फीलींग जाता गे मामा?
केन्ना तरी तुका
उगडास म्हजो
येता गे मामा?

32.

प्रॉपर्टी

डॅडी म्हज्या,
जाणटो तूं जाला
पूण हांव आजून
तरणीं आसां म्हूण
तुका खबर ना?
कांवळ्याचो तोवश्यार
दोळो आसचो, तसो
प्रॉपरटीचेर तुज्या
नदर आसलेले
दोळे म्हजे
संदी मेळटांच
ताव मारूंक
मर्णाची तुज्या
वाट पळेत आसात म्हूण
तुकां खबर ना?
आसची तरी कशी?
हांवेनूच खबर तुजी
केन्ना घेतली ना,
पान दुडू तुका हांवें
केन्ना धाडलो ना,
दुखांत तुज्या केन्ना
वांटो हांवें घेतलो ना,
भलायकेची नीगा तुज्या
केन्ना घेतली ना; पूण
लजेंत तुकां घालूंक मात

एकूय वाट बाकी दवरली ना;
लग्न हांव जालीं, तरूय
प्रॉपर्टीची तुज्या आशा
लज-पेज नासतना
आयजवेर लेगीत सोडलीना;
लज तर हांवें भाजून खाल्ल्या
पूण लजेक आनी पेजेक पडना म्हूण
तुकां खबर ना?
ज्या मनशाक उजवाड दिसना
ताका बोटान दिवो दाखववपांत
कसलोच अर्थ ना;
देखून, शिंमऱ्या भशेन आतां
सांगचें जाल्यार तुकां
कट्टेंत नाक बुडोवन
जीव दिवपाक
कट्टी दिवंक म्हाका
डॅडी, कसोच विसरूं नाका,
कसोच डॅडी विसरूं नाका.

33.

शीण

पिडेंतली मांयक म्हजे बरी करूंक
देवा कितलो हांवें उलो मारलो तुकां,
पूण उलो म्हजो तुंवें आयकलोच ना
आपोवन तुजेशीं तुवें व्हेलीच तिका.

खूब कितें तिका आजून सांगचें आसा
खूब-खूब तिचे कडेन उलंवचें आसा
कितल्यो गजाल्यो करच्यो बाकी उरल्या
कितलें सुख शेयर करचें उरलां.

सांग देवा, हांवें आतां कितें करचें?
कोणाशीं हांवें धावून वचचें?
कोणाक म्हजें दूख सांगचें?
कोणाशीं मन हलकें करचें?

सांग देवा, सांग म्हाका
कोणाच्या हुसक्यार तकली दवरची?
कोणाचे मांडयेची उब भोगची?
कोणाचे वेंगेंत कूड लिपोंवची?

सांगशी देवा म्हाका?
कसलोय तरी उपाय सांगशी म्हाका?
कसलोय उपाय हाचेर काडशी देवा?
आसा कसलो तरी उपाय हाचेर देवा?

आनी, आसा उपाय जाल्यार... जाल्यार
सांगूंक म्हाका देवा विसरूंनाका
घुसमटमार म्हजो नदरे आड करीनाका
शीण म्हजो भेऱ्या कानार घालीनाका.

34.

काळ हो असो

पोटाची भूक मारूंक
पान-दुड्डू
चोरी करपी गरीब
भोगता ख्वास्त
बंदखणींत,
केल्ल्या आपल्या
गुन्यावांची; आनी
गिरेस्तकाय पुंजावंक
चोरी करपी चोर
थापून कोणाचेरूय
गुन्यांव आपलो
फोल्गां, मौजा मारूंक
जाता आपूण मेकळो.

35.

लाचारी

एक अस्तुरी मार्गा देगेक बसलेली
हात फुडें करून ती भीक मागताली
हुंटयेंत तिचे एक माणकुली चली आसली
आवयच्या पोटाक वेंग मारून रडटाली.

शेकड्यांनी लोक तेवटेन येता वतालो
सगळो आपापल्या राटावळींनी गुल्ल आसलो
फुडें केल्लो एक हात कोणाकुच दिसनासलो
तिचे वसल्यान पळोवंकूय कोणाक वेळ नासलो.

ती भुकेन कश्टवताली, तळमळटाली
उदकूच पियून घडयेक पोट भरतली आसली
अदृश्ट आपलें नियाळून सुसकारताली
देवाचेर आपलो शीण करताशी दिसताली.

देखाव्यान ह्या कवीक कविता करूंक भूल घातली
कविता बरोवन ताणें वर्तमानपत्रार छापली
लोकांनी कवीची वाखाणणी केली
पूण ते गरीब अस्तुरेच्या वांट्याक मात लाचारीच उरली.

36.

बेसांव

गॅलेरींत रातचीं मांय
आसलीं हांव उबीं,
मळबांत वयर
कुपांक पळयतालीं,
नखेत्रां मदेकत
तुकां सोदतालीं,
झळख तुजी
पळोवंक मांय
मनापासून गे
हांव आशेतालीं.

तेन्ना,
नखेत्रां मदल्यान
वाट काडीत,
कुपांक सगळ्यां
कुशीक सारीत,
ताकतीकेन सो
चान्नी मामा
ल्हवूच कसो
पळोवन म्हाका
अमुरकोच हांसलो.

आनी,
तुवें म्हाका
पळेल्ल्याचें,
हांवेंनूय तुकां
पळेल्ल्याचें
समाधान जालें;
न्हिदचे आदीं
बेसांव तुजें
घेतलेल्याचें
धादोसपण भोगलें.

37.

कशें कळटलें?

उलोवपांत नासलोलो अर्थ
तो आपशींच समजता; पूण
उलोवपांत आसलोलो अर्थ
किलोय ताका समजायल्यारूय
कसोच तो समजना;
घडयेक सगळें कितें
समजून लेगीत तो
समजूंक नासलेल्याचें
धोंग करता जाल्यारूय,
पिश्यांत तो म्हाका
काडटा जाल्यारूय
म्हाका कशें कळटलें?

38.

सगळेच रडटात

नासलेलो रडटा
पेजेक तांदूळ ना म्हूण;
आसलेलो रडटा
पोट फुटसर
पेज जेवून
पोट फुगलें म्हूण.

39.

सगळेच हुसकेतात

नासलेलो हुसकेता
फाल्यांच्या दुडवांक
दारार कोणाच्या
मारूं म्हूण;
आसलेलो हुसकेता
आपणे एकटायल्ले दुडू
चोराचें नशीब
उगडीत म्हूण.

40.

सगळेच खंती

नासलेल्याक खंत
पोटाची भूक
भागोवपाची;
आसलेल्याक खंत
भूक नासतना
जेवलेल्या
अजीर्वणेची.

41.

सगळेच करतात शीण

सुस्त झेम
आपल्याक दिवन
उंशें मात
दिलें ना म्हूण
नासलेलो शिणटा देवाक;
मोव-मोव कुलच्यांव
आपल्याक दिवन
झेमूच आपल्याक
दिली ना म्हूण
आसलोलोल शिणटा
त्याच देवाक.

42.

कोण दुखी, कोण सुखी

नासलेल्याचें एक दुख, जाल्यार
आसलेल्याचें वेगळेंच सूख;
कूड धांपूक
लुगोट ना देखून
नासलेल्याक
जाता दूख;
लुगोट आसतनांय
कुड उगटी
घालपांत आसा
आसलेल्याचें सूख.

43.

जिवित हें अशें

जिवित हें अशें कशें?
कसलेंच शियासण नासलेलें.

जनेला भायर मौज मस्ती
नाचप, गावप, खावप, पियेवप
तृप्त जावन उंडणां मारप; आनी
त्याच जनेला भितर
कपलाक मिरयो, चिंतनांचो भार
कशें जातलें, कितें जातलें
कितें करचें, खंय वेचें.

जिवित हें अशें कशें?
कसलेंच शियासण नासलेलें.

जनेला भायर सूख-सोंतोस
पिकनिकेंक, पार्ट्यांक, नाचांक वचप
नाटकांनी, सिनेमांनी गुल्ल जावप; आनी
त्याच जनेला भितर
दुयेंसां, पिडेंत चडफडप
कुडीचे, मनाचे तळमळे भोगोप
दुखीं, कश्टांनी रेवडून वचप.

जिवित हें अशें कशें?
कसलेंच शियासण नासलेलें.

जनेला भायर न्हेसप, नेटप, श्रृंगारप
मोटोरांनी बसून भोंवड्यो करप
खसपांयांचेर भरपूर दुडू वोतोवप; आनी
त्याच जनेला भितर
कश्टां, दोग्दांनी तळमळप
विंचारांच्या संवसारांत शेणप
मनाक मनस्ताप करून घेवप.

जिवित हें अशें कशें?
कसलेंच शियासण नासलेलें.

जनेला भायल्या मनशांक
ना उरूंक कसलें भान
ना उरूंक कसलें ध्यान
ना उरूंक कसलें अंतस्कर्ण; आनी
त्याच जनेला भितरल्यांक
उरलां भिरांतीचें कूप
उरलां निराशेचें दूख
उरलां ताणीं आजून भोगूंक
दयेन भरलेल्या काळजाचें सूख.

जिवित हें अशें कशें?
कसलेंच शियासण नासलेलें.

44.

संवसार खंय पावला?

म्हणटात, संवसार हो
चारूच दिसांचो,
खंय पावला तो?
प्रश्न मात मोटो;
पूण, संवसार कोणाचो?
हाचो ? ताचो?
जाणट्यांचो? नेणट्यांचो?
गरीबांचो? गिरेस्तांचो?
शिक्षितांचो? अशिक्षितांचो?
चोरांचो? नागोवण्यांचो?
आकांत हाडप्यांचो? वो
आकांताक सांपडलेल्यांचो?
संवसार कोणाचो?
खंय पावला तो?
म्हाका मात्तूय
खबर ना;
कशी आसची?
जेन्ना म्हज्या स्वताच्या
संवसाराची वाट
जंय पावोवपाक
म्हाका जाय
थंयसर ती पावल्या? वो
संवसाराची म्हज्या
वाट लागल्या?
तीच म्हाका खबर ना!!!

तरूय, चक्रव्हुवांतल्यान ह्या
वाट म्हाका
काडपाची आसा,
संवसाराची वाट
सांगातान म्हज्या
व्हरपाची आसा,
वाटेर सुखाचो
शिंवर म्हाका
झडवपाचो आसा,
खोश्येचो हुंवार
हाडपाचो आसा,
उमेदीच्यां ल्हारांचेर
पेंवपाचें आसा,
लक्ष्य म्हजें
दोळ्यां मुखार
थीर दवरून
एक, एक पावल चलत
फुडें, फुडें
वचपाचें आसा,
थिकाण्यार म्हज्या
लागीं, लागीं
पावपाचें आसा,
जिविताचें म्हज्या
सार्थक म्हाका
करपाचें आसा.

45.

दोत

चल्यागेलीं चलयेगेर आयलीं
करूंक लग्नाचीं उलोवणीं
स्वागत तांचें केलें तांणी
गोड, मन भूलवपी उतरांनी.

चलयेन रांदलोलो भरपूर नास्तो
चल्यागेल्यां फुड्यांत मांडलो
नास्ट्याचो तांणी स्वाद घेतलो
चलयेच्या गुणांचो जयजयकार केलो.

मागीर सुरू जालो 'मागपाचो' दबाजो
भांगर, शिंगार, सोफा, कबडाचो
रुपें, तांबें, मोटार गाडयेचो
होंकलेच्या बापायच्या जिविताचो तमासो.

आपले आवयचें व्हसव्हसपण
चलो थंय दोळे भर पळेतालो
तरुय तांची ना भागपी आशा भागोवंक
तो कथपुतली बावली कसो मोनोच रावलो.

दिवपा घेवपाची राटावळ चलताली
चलीय बी हें सगळें पळेत आसली
सूंठ कशीं बापायचे फाटीक तीं लागिल्लीं.
तरूय थंय खूंट कशी चली उबी आसली.

आपल्यां गुणांचो चलयेक स्वाभीमान नासलो
आपल्या शिक्षणाचो तिका अभिमान नासलो
आपले कलेचो तिका कसलोच गर्व नासलो
आपल्या आत्मविस्वासाचेर तिचो विस्वास नासलो.

आपल्या फुडाराचो तिका दिश्टावो नासलो
आपल्या जिविताचो तिका ध्येय नासलो
आपल्या अस्तित्वाचो तिका उगडास नासलो
आपल्या आवय बापायचो तिका हुसकोच नासलो.

स्वावलंबी जावंक तिका उमेद नासली
क्रांतिकारी जावंक तिका इत्सा नासली
दोती आड आवाज उठोवपा खातीर
ते चलयेच्या तोंडांत जीबूच नासली.

46.

रडगाणें

ह्या संवसारांतलें हें
सूख कितें, दूख कितें,
निर्शेल्ल्या आमच्या मनाक ह्या
सगळें हें एकूच कशें,
दिसा-दिसपट्टें जिवित हें
जियेंवचें तरी कशें?
नासुटपी हुमाणें हें
जालां आमचे संवयेचें,
दिशाभूल करपी रडगाणें;
हाचेर आसा तरी उपाय कितें?
रडतूच आमी रावपाचें आनी
दिशा दाखवपी सुखाणें
जिविताच्या आमच्या व्हड्याचें
अशेंच वयर, वयर वाऱ्यार
उबोंत सोडपाचें? आनी
व्हडें आमचें जिविताचें

दोग्दांच्या दरयांत शेणोवपाचें?
ना; आमी करपाचें तें हें :
सुखाणें आमच्या जिविताचें
तावडेंत आमच्या धरपाचें,
जिविताचें व्हडें आमचें
आमकां जाय थंयच व्हरपाचें,
रडगाणें हें आमचें
खोशयेचें गाणें करपाचें,
जिविताच्या दर खिणाक
काळजांत सावन गावपाचें,
गायत, गायत जिवित हें जगपाचें.

47.

अकस्मात एक दीस आयलो

अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदलबदल करून गेलो.

सकाळीं गडबडान उठचें
खरशेत, धांपेत ऑफिसाक वेचें
सांजे धांवत परतून घरा येवचें
रांदचें, जेंवचें, न्हिदचें
परत सकाळीं आनी परत सांजे
तेंच, तेंच करचें, करीत रावचें
तिच, तिच धडपडपी सकाळ
तिच, तिच धडपडपी सांज.

आनी, आकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदलबदल करून गेलो.

धांवपळीचें जिवित म्हजें
तशें भोवूच रंगीन आसलें
उजवाडलेल्या दरेक नव्या दिसा
नवें, नवें कार्य करचें
संवसारांत म्हज्या आसण्याचो
कोणाक तरी फायदो जांवचो
म्हण येवजणेर येवजोण्यो येवजूंच्यो
जिविताक म्हज्या अर्थ दिंवचो.

आनी, अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदलबदल करून गेलो.

धांवपळीचें जिवित म्हजें
खिणा भितर थप्प जालें
कितें करचें, खंय वेचें
खंय धांवचें, कोणाक सांगचें
कितें चिंतचें, कितें येवजूंचें
कोणाक शीणचें, काय नशीबाक रडचें
कांयच एक समजना जालें
कीर्ण आशेचें ना नपयत जालें;

जेन्ना अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदलबदल करून गेलो.

धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
हॉसपिटलाचें दर्शन जालें
काळजांत म्हज्या कच्च जालें
मनांत भिरांतीचें कूप दाटलें
मन म्हजें साप्प कांचवेलें
इश्ट, इश्टीणी, सयरीं दायरीं सोंदूक लागलें
पिसांतूर दोळे हेवटेन तेवटेन सोदीत रावले
पूण कोणूच दिसलीं ना, आयलींच ना.

जेन्ना अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
सगळोच आदलबदल करून गेलो.

केल्ली आशा, वांट्याक आयली निराशा
तरूय रावलीं स्थीर, कसोच धीर सोडलोना
आशेचें झगझगीत एक कीर्ण दिसलें
मन म्हजें सुखान सुखावलें
काळीज म्हजें धादोसकायेन भरलें
जेन्ना तीं म्हजो धीर आधार जालीं
जांचे कडल्यान म्हाका अपेक्षाच नासली
जांचे कडल्यान म्हाका आशाच नासली.
आनी, अकस्मात तो एक दीस आयलो
आनी धांवपळीच्या जिवितांत म्हज्या
नवो आदलबदल करून गेलो;
उजवाडाचो फोलेर जावन गेलो
भरवांशाचो स्थंभ जावन गेलो
जिविताक म्हज्या नवो अर्थ दिवन गेलो
जिविता पेलयांत म्हज्या
गोड अमृत ओतोवन गेलो
जेन्ना तीं म्हजो धीर आधार जालीं
जांचे कडल्यान म्हाका अपेक्षा नासली.

बालविभाग

मिण्टू-चिण्टूच्यो कविता

1.

धाकटुलें मिण्टू

मिण्टू आमचें धाकटूलें
भौच अपूर्बायेचें,
मिण्टूक पिशें टी. व्ही. पळोवपाचें
पूण माथ्यार वजें अभ्यासाचें.

मिण्टू आळसाय करता खरें
पूण अभ्यासांत मात सदांच फुडें,
सगळे प्रोजेक्टस् करता पूरे
आनी टिचरीचें जाता लाडकें.

परिक्षेचे दीस पावतकूच लागीं
मिण्टू लागता अभ्यासाचे पाटीं,
मिण्टूच्यो सुरू जातात उठाबशी
पास जावपाक कशेय परीं.

मिण्टू अभ्यास वाच-वाच वाचता
रातीचे दीस आनी दिसाच्यो राती करता,
सकाळीं उठून परिक्षेक वता
आनी बऱ्या गुणांनी पास जाता.

2.

मिण्टूचें शाईन

धाकटुल्या मिण्टूच्या आमच्या
लागीं पाविल्ल्यो परिक्षा,
मिण्टू आसलें टेनशनांत अभ्यासाच्या,
घुस्पल्लें सांखळेन प्रश्न उत्तरांच्या.

मिण्टू बसलें धडो वाचूंक
ध्यान - मन लावन समजून घेवंक,
लक्ष पूर्ण केन्द्रीत करून
लागलें उतरान उतर पाठ करूंक.

इतल्यान आयलें शाईन धावून
लागलें मिण्टूक टाळणेंत घालूंक,
आपले बाराबोर नाचूंक उडूंक
मिण्टूकूय आयली उमेद खेळूंक.

खेळल्यार अभ्यास उरतलो अपूरो
परिक्षेक जातलो मोटो घोटाळो,
फुड्यांत येतलो नरकासूर प्रश्न उत्तरांचो
देखून शाईनाचो नाद सोडल्यार बरो.

मिण्टून घातलें शाईनाक धांवडावन
शाईन पळून गेलें करीत म्यांव, म्यांव,
मिण्टून केलो जबरदस्त अभ्यास
आनी सगळ्यां विशयांनी जालें पास.

3.

ट्री हाऊस

मिण्टून बांधलें धाकटूलेशें घर
सारखेंच आंब्याच्या मुळांत,
तांतूंत उमेदीन बसलीं कविता बरयत
धाकटूलें म्हजें मिण्टू आनी हांव;
तितल्यान आमचेशीं धांवून आयलें शायन
करीत म्यांव, म्यांव, म्यांव, म्यांव.

शायनाक आमी घेतलें भितर
ताकाय दिलें पेन आनी पेपर
आनी सांगलें 'तुंवुंय कविता कर';
पूण शायन खंय बरयता?
शायन बसलें आमकां पळयत
आनी आमीय उरलीं शायनाक तोकेत.

इतल्यान नुस्तेकाण्णीन उगडलो दुर्गाचो दारवंटो
आनी बल्कांवांत दवरलो नुस्त्याचो पांटुलो
खंयच्यानूच शायनाच्या नाकांत भरलो
शायनाच्या आवडीचो वास बांगड्यांचो,
शायनान मारली बांगड्यांचेर दावली
आनी आमी आमची कविता पूर्ण केली.

4.

राणीची बाग

एक आसलें धाकटूलें चेडूं
ताचें नांव मिण्टू,
मिण्टूक व्हेलें भोवूंक
रस्त्यावयल्यान लागलें धावूंक.

बायेन धरलो एक हात
आत्यान धरलो दुसरो हात,
अशे तरेन माणकुल्या मिण्टूक
व्हेलें पळोवपाक राणीची बाग.

जनवारांनी भरल्या राणीची बाग
हती, घोडो, गेन्डो, वाग,
वांशेल, माकोड, मेरवां साबार
मिण्टूचेर आयलो खोशेचो हुंवार.

मिण्टू सगळेंच खोशेन भरलें
हेवटेन तेवटेन धांवत सुटलें,
सारखेंच वागाच्या पिंजऱ्याशीं पावलें
वागाक पळोवन भोव अजापलें.

वाग खातालो मांसाचो गुळो
खाता खाता धेंकोर घातलो,
मिण्टूक दिसलें आपल्याक धेंगसो घातलो
बाबड्याचो जालो मोटोच घोटाळो.

खंयच्यान धांवचें समजना
कोणाक घट्ट धरचें कळना,
आत्यान ताका उखलून धरलें
तेन्ना ताचें समाधान जालें.

मिण्टूक आयलो वागाचो राग
मिण्टून आनीक केलीना जाग,
आईसक्रीम खावन खोशी जावन
भोंवून आयल्यांव राणीची बाग.

5.

मिण्टूचो हावेस

धाकट्या मिण्टूक आवड जनवारांची
सुण्याची, माजराची, कोंबयेची,
तशीच आवड म्हाताऱ्यां मनशांची
शापायची, शामांयची, सगळ्यां जाणटेल्यांची.

मिण्टू तांकां हाताक धरून चलयता
सकयल व्हरता, वयर हाडटा,
मागलेली वस्त हाडून दिता
कसलेय गरजेक वेगींच धांवता.

मिण्टूच्या जिवितांत हावेस एकूच
जाणटेल्यांची भरपूर सेवा करूंक,
तांचो आपल्याक आशीर्वाद मेळोवंक
जिविताचें आपल्या सार्थक करूंक.

6.

चिण्टू

चिण्टू आमचें धाकटूलें
गोऱ्या, धव्या रंगाचें
काळ्या, मुदयाळ्या केंसांचें
गुलाबी, मोव वोंटांचें
बारीक चीनी दोळ्यांचें
ल्हानशा गोल तोंडाचें
सुळसुळीत फुगऱ्या गालांचें
मजबूत घट्ट हातांचें
धीट कडक पायांचें
हांसत्या मुखामळाचें.
पूण
दूद पियूंक मात
जबर खिटखिटें;
अशें हें
चिण्टू आमचें.

7.

गौरव

गौरव आमचो धाकटुलो
एका वर्साचो बाबुलो,
आसा सामको वाटकुलो
गोल, गोल बोल कसो.

बाबुलो आमचो उमेदी
चलुंक सारखें जमना, पूण
नाचूंक कोणाक आयकना
बरोच नाचता, मारून उडणां.

गौरवची सगळीं करतात काळजी
ताची आजी आनी ताची पणजी,
आवय हाडून दिता चॉकलेटी
गौरव खाता मारून मिटी.

धिमकुऱ्यांनी भंवतालो तो
आतां पांवळां मारूंक लागलो,
आजयेची, पणजेची पाटल्यान आपले
धांवपळ करूंक लागलो.

गौरव धांवता फुडल्यान
आजी धांवता ताचे फाटल्यान,
असो धांवपळीचो चलता हो
खेळ तांचे स्पर्धेचो.

बाबुल्याक सांपडायता आजी तावडेंत
हाडून घालता पणजेचे हुंटयेंत,
पणजी ताका धरून आपले वेंगेंत
वत्ता मोग बाबुल्याचे जिणेंत.

8.

पतंग

आकाशांतलीं हीं कुपां
गोंयां सावन मुंबय येतात
येतना पावस हाडटात,
आनी सांगातान
चिण्टूचो म्हाका
रेकादूय घेवन येतात.

थंड हें वारें
गोंयां सावन मुंबय धांवता,
धांवताना थंडाय हाडटा,
आनी सांगाता
चिण्टूची म्हाका उमळशीक घेवन येता.

कवितेचें हें पतंग
हांव मुंबय थावन गोंयां धाडटां
म्हजो मोग चिण्टूक धाडटां
आनी सांगातान
चिण्टूक म्हजो आशिर्वाद धाडून दितां.

फिलोमीना साँफ्राँसिस्को

उजवाडाक आयिल्ली बरपावळ –

1. म्हजो दिस्टावो
   (काणयां संग्रह – देवनागरींत आनी रोमी लिपींत 2005, 2008)
2. ओंपता तें पिकता
   (सान काणयां संग्रह – 2008)
3. टुनटुनीच्यो काणयों
   (उपेंद्रकिशोर राय चौधरी हांगेल्या बंगाली काणयांचो कोंकणी अणकार)
4. हुंबऱ्यावयली पणटी
   (कविता संग्रह – 2011)
5. गुलमोहर
   (कविता संग्रह – 2015)

कोंकणी साहित्याच्या मळार फिलोमीना साँफ्राँसिस्को हें नांव आतां वळखीचे जालां. ताणें आपणाले बरपावळीची सुरवात ल्हान पिरायेर केली. मागीर 'दर म्हयन्याची रोटी', 'वावराड्यांचो इश्ट', 'नवें गोंय', 'कोंकण मेल', 'गुलाब', 'गोवन रिव्ह्यू' आदि नेमाळ्यांनी तागेली बरपावळ नेमान उजवाडाक येवंक लागली. ताणें बरयिल्ल्या निबंद– काणयांक नेमाळीं आनी संस्थां कडल्यान इनामांय लाबल्यांत. मुंबय, गोंय तशेंच कर्नाटकांत जाल्ल्या कवी संमेलनांनी ताणें वांटो घेतला. आकाशवाणीच्या मुंबई केंद्रावेल्यानूय ताणें कविता वाचन केलां. तें मुंबयत रावता.

तांचे कवितेविशीं नामनेचे गीतकार, पत्रकार आनी कोंकणी चळवळीचे फुडारी ॲड. उदय भेंब्रे म्हणटात–

''ह्या कवितांनी मनशांच्या मनांचें निरिक्षण मेळटा आनी त्या निरिक्षणांतल्यान कवयित्रीन अळंग उखलून काडिल्लो उमाळो वाचप्याचेंय मन सांसपिता. कोणाक सैम पिशें लायता; तर कोणाक सरभोंवतणी मनशांचो जो वेव्हार चलता तातुंतल्यान सबावांची विविधताय साद घालता. मुंबय सारक्या महानगरांत रावपी लेखक वा कवी सैमा परस मनीस – सबावाचो, मनशाच्या उमाळ्यांचो, उत्फक्र्यांचो आनी तांच्या सुखा–दुखाचो चड खोलायेन अभ्यास करता आनी त्या अभ्यासाचें पडबिंब ताचे बरपावळींत पडटा. कोंकणी कविता गिरेस्त करपाचो होवूय एक मार्ग. फिलोमीनाबायन तो वेंचून काडला आसत जाल्यार तांकां परबीं दिवन तांचें योगदान फळादीक जावचें अशी आस्त आमी धरूंया.'' (प्रस्तावनेंतल्यान)

₹ 75/–